Panaji National 1st February 2026 8.40am
अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन आज लोकसभेत केंद्रीय अर्थसंकल्प २०२६-२७ सादर करतल्यो.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज संत गुरू रविदास हांच्या 649व्या जयंतीच्या निमतान पंजाबाक भेट दितले.

भारतीय तटरक्षक दल आज आपलो ५० वो स्थापना दिस  मनयता.

दादल्यांच्या क्रिकेटांत, भारतान काल  जाल्ले पांचवे आनी निमाणे मॅचींत न्यूझीलंडाक 46 धांवड्यांनी हारोवन 5 मॅचींची टी20 माळ  4-1 अशी जिखली.

FM Budget – 110
अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन आज लोकसभेत केंद्रीय अर्थसंकल्प २०२६-२७ सादर करतल्यो. सकयल्या सभाघरांत अर्थसंकल्प सादर केल्या उपरांत ताची प्रत राज्यसभेंत मांडटले. नरेंद्र मोदी सरकाराच्या तिसऱ्या कार्यकाळांतलें हें तिसरें अर्थसंकल्प आसतलें.
अदमासपत्रक तयार करच्या पयलीं,अर्थमंत्र्यांनी अर्थशास्त्रज्ञ, कामगार संघटना, शिक्षण आणि भलायकी क्षेत्रातले प्रतिनिधी, लघु आणि मध्यम उद्योग, व्यापार आणि सेवा क्षेत्र, उद्योग, वित्तीय क्षेत्र आणि भांडवली बाजार हांच्या संयत वेग वेगळ्या भागधारकां बरोबर सल्लामसलत बसका घेतल्यो.
संसदेंत अर्थसंकल्पीय भाशण पुराय जाले उपरांत अर्थसंकल्पीय document युनियन बजेट मोबाइल ॲप आनी संकेतथळार उपलब्ध जातले. केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर केल्या उपरांत अर्थमंत्री देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारातल्या सुमार तीस महाविद्यालयीन विद्यार्थ्यां कडेन संवाद सादतल्यो. 28 जानेवारीक सुरू जाल्लें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन 2 एप्रील मेरेन चालतलें.

Stock market budget – 60
अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण आज केंद्रीय अर्थसंकल्प २०२६-२७ सादर करतल्यो. सदच्या सप्तकाखेरच्या वेळापत्रकापासून वेगळा निर्णय घेत, आयतार असून लेगीत

आज बॉम्बे स्टॉक एक्सचेंज (बीएसई) आणि नॅशनल स्टॉक एक्सचेंज (एनएसई)त (लाईव्ह ट्रेडिंग सेशन) जातले.
ह्या म्हयन्याचे सुरवेक एक्सचेंजांनी गुंतवणूकदारांक कळयललें की नियमित वेव्हार सकाळीं 9:15 ते सांजे 3:30 मेरेन चलतलो, जाल्यार कमोडिटी डेरिव्हेटिव्हज बाजारांत सांजवेळा 5:00 मेरेन वेपार चलतलो.

PM Punjab – 110
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज संत गुरू रविदास हांच्या 649व्या जयंतीच्या निमतान पंजाबाक भेट दितले. मोदी आदमपूर विमानतळाक भेट दितले, थंय ते विमानतळाच्या "श्री गुरू रविदास जी विमानतळ, आदमपूर" ह्या नव्या नावाचे अनावरण करतले.
तशेंच प्रधानमंत्री मोदी लुधियानाच्या हलवारा विमानतळार टर्मिनल इमारतीचें उक्तावण करतले. टर्मिनल इमारत राज्या खातीर नवे प्रवेशद्वार थारतली, जी लुधियाना आनी ताचे भोंवतणच्या उद्देगीक आनी शेतकी वाटाराच्यो गरजो पुराय करतली.

Coast guard – 65
भारतीय तटरक्षक दल आज आपलो ५० वो स्थापना दिस मनयता, सुमार पांच दशकां देशा खातीर समर्पीत आनी नि:स्वार्थ सेवा केल्याचे हे प्रतीक आसा. १९७७ वर्सा फकत सात surface platforms पासून सुरू जाल्ले भारतीय तटरक्षक दळ आयज १५५ तारवां आनी ८० विमानां आशिल्ली एक व्हड सागरी शक्तीच्या रूपांत विकसित जाल्या. २०३० मेरेन २०० surface platforms आनी १०० विमानांचे लक्ष्य साध्य करपा खातीर तटरक्षक दल सज्ज आसा.

Pawar – 90
राज्यसभेच्यो खासदार सुनेत्रा पवार हाणी काल महाराष्ट्राच्यो उपमुख्यमंत्री म्हणून सोपूत घेतलो. 62 वर्सां पिरायेच्यो सुनेत्रा पवार ह्यो राज्याच्यो पयली महिला उपमुख्यमंत्री जाल्या. महाराष्ट्राचे उपमुख्यमंत्री आनी तांचो घरकार अजीत पवार हांका फाटल्या आठोवड्याच्या सुरवातेक विमान अपघातांत मरण आयल्ले.

काल दक्षिण मुंबयत विधानभवन संकुलांत स्वर्गेस्त अजीत पवाराच्या कार्यालयांत जाल्ल्या पक्षाच्या विधीमंडळ पक्षाच्या बसकेंत सुनेत्रा पवार हांची एकमतान राष्ट्रवादी विधीमंडळ पक्षाच्यो फुडारी म्हणून निवड जाली.

Mah BBATRC - 145
महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस आणि भारताचे आदले सरन्यायाधीश न्यायमूर्ती भूषण आर. गवई हाणी काल नवी मुंबईत तळोजात देशातल्या पयल्या 'भारत रत्न डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर ॲडव्होकेट ट्रेनिंग ॲंड रिसर्च सेंटर' (BBATRC) चे उक्तावण केले.महाराष्ट्र आनी गोवा बार काउन्सिलान हें केंद्र स्थापन केलां. कायदेशीर वेवसाय घटमूट करपा खातीर हो एक म्हत्वाचो उपक्रम अशें उक्तावण सुवाळ्यांत उलयतना फडनावीस हाणी सांगलें. कायदेशीर शिक्षण आनी वेव्हारीक न्यायालयीन वेव्हार हांचे मदली दरी पयस करपाक अकादेमीची म्हत्वाची भुमिका आसतली अशें तांणी सांगलें. इमारतीची गुणवत्ता आणि वेळेत पूर्णता हातूंतल्यान सर्गेस्त उपमुख्यमंत्री अजित पवार हांची कार्यसंस्कृती दिसून येता अशें फडणवीस हांणी सांगलें. फडणवीस हांणी तांकां श्रद्धांजली अर्पण केली.

Shivraj – 85
भारतांतल्या शेतकारांनी आपल्या कश्टान आनी समर्पणान देशाची दिका आनी आनी स्थिती दोनूय बदलल्या अशें केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. छत्तीसगढच्या दुर्ग जिल्ह्यांतल्या कुंहारीत जाल्ल्या किसान मेळ्यात उलयतना केंद्रीय कृशी मंत्र्यांनी सांगलें, शेतकारांचें उत्पन्न वाडोवपा खातीर शेतकी फायद्याचो उद्देग करचो पडटलो. हे खातीर पारंपारीक शेती पद्दती बरोबर शेतकारांनी नवे तंत्रगिन्यान, सुदारीत बियाणे, फळां, फुलां, भाजीपालो आनी वखदी पिकांची लागवड करपाची गरज आसा. शेतकारांक शेतकाम चड फायदेशीर करपा खातीर केंद्र आनी राज्य सरकार संयुक्तपणान शक्य तितली पावलां उबारतले अशें तांणी सांगलें.

Mah – 65

केंद्रीय संस्कृती आनी पर्यटन मंत्री गजेंद्र सिंग शेखावत हांणी काल महाराष्ट्रात नाशिक जिल्ह्यांतल्या त्रिंबकेश्वरांतल्या निवृत्ती महाराज आश्रमांत पर्यटन मंत्रालयाच्या प्रसाद येवजणे खाला बांदिल्ले प्रशासकीय इमारत आनी दर्शन रांक मंडपाचें उक्तावण केलें. येता त्या कुंभमेळ्याच्या फाटभुयेर नाशिक आणि त्र्यंबकेश्वरात मोठ्या प्रमाणात उदरगतीची कामा सुरू आसात आनी सगळे प्रकल्प बेगीनांत बेगीन पुराय जातले. ह्या उपक्रमाक लागून भक्तांक आनी पर्यटकांक बरी सुविधा मेळटली असो विस्वास तांणी उक्तायला.

SBI – 70

भारतीय स्टेट बँक (एसबीआय) न भारताच्या आर्थिक परिवर्तना खातीर महत्वाचे थरपी उदेपी (सनराईज) क्षेत्रांक वित्तपुरवन करपाच्या उद्देशान 'चक्र' (CHAKRA) हे उत्कृष्टता केंद्र (सेंटर ऑफ एक्सलन्स - CoE) सुरू केले.

फुडले पिळगेंतल्या,तंत्रज्ञानाधारित आणि शाश्वततेचेर लक्ष केंद्रीत केल्ल्या उद्देगांक निधी उपलब्ध करून दिवपा खातीर हें केंद्र गिन्यानाचेर आदारिल्लें मंच म्हणून काम करतलें. ह्या केंद्राचें उक्तावण मुंबयंत अर्थीक सेवा खात्याचे सचीव एम. नागराजू हाणी एसबीआयचे अध्यक्ष चल्ला श्रीनिवासुलू सेट्टी हांच्या हाजिरेंत केले.

Nabin Goa – 150

राजनिती ही 100 मीटराची रेस न्ही,राजनिती म्हणल्यार मैरोथोन हांगि speed पेक्षा stamina जाय अशे म्हणीत गोंयच्या दरेका बूथाचेर एनडीए आनी भाजपा खातीर उण्यांत उणीं 50 टक्के मतां मेळोवन दिवपाच्या ध्येयान पक्ष कार्यकर्त्यांक तयारी करची असो उलो भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी काल भाजप कार्यकर्ता सन्मेलनात कार्यकर्त्यांक मारलो .

गोंयचें दर मनशाचें उत्पन्न 2014 वर्सा ₹1.12 लाख आशिल्लें तें 2023-24 वर्सा सुमार ₹3 लाख जालां, जें राज्यांतल्या नेटान जावपी उदरगतीचें प्रतिबिंब आसा अशें नबीन हांणी सांगलें. दोन विमानतळ, विस्तारपी एक्सप्रेसवे, राष्ट्रीय म्हामार्ग, नवे फ्लायओव्हर अशा मुखेल मुळाव्या साधनसुविधांचेर, आनी गोयाता जावपी fdi

investmentचेर , तांणी भर दिलो. भारतीय जनता पार्टीन ताळगांवा कम्युनिटी हाॅलात आयोजीत केल्ल्या कार्यकर्ता सन्मेलनात ते उलयताले. Byte- Niti Nabin ह्यावेळार कार्यकर्ते व्हडा आकड्यान हाजीर आशील्ले.
नितीन नबीन हांच्या फुडारपण आनी मार्गदर्शनाखाला 2027 ची विधानसभा वेंचणुक भाजपुच जिखतले असो विस्वास मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी उक्तायला.

IMD – 60
भारतीय हवामान खात्यानं (आयएमडी) उदेंत राजस्थान आनी अस्तंत मध्य प्रदेशात काय सुवातींनी कऱ्यांचो पावसा संयत गडगड मारपाचो orange अलर्ट जारी केला. तशेंच उदेंत उत्तर प्रदेशात कुडकुडयाचें शि आनी ओडिशात दाट धुक्याची परिस्थिती आयएमडीन उक्तायल्या.

Cricket – 60
दादल्यांच्या क्रिकेटांत काल रातीं तिरुवनंतपुरमांतल्या ग्रीनफील्ड आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर जाल्ल्या पांच मॅचींच्या मालिकेच्या पांचव्या आनी निमाण्या टी-20 मॅचींत भारतान न्यूझीलंडाक 46 धांवड्यांनी हारोवन, हि माळ ४-१ अशी जिखली. भारतान दिल्ल्या 272 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करपी न्यूझीलंडान 19.4 ओव्हरींनी 225 धांवड्यो केल्यो.
पयली फलंदाजी करपाची निवड करून भारतान निर्धारित 20 ओव्हरींनी पांच विकेटी वगडावन 271 धांवड्यो केल्यो.
इशान किशनाक Player of the Match, जाल्यार भारतीय कर्णधार सूर्यकुमार यादवाक Player of the Series खिताब फावो जालो.